Akashvani Panaji National Bulletin

25 April 2025

पोप फ्रान्सिस हांच्या निमणेसंस्कारात वाटेकार जावपाखातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज व्हॅटिकन सिटीच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार वतल्यो.राष्ट्रपती मुर्मू भारत सरकार आनी नागरिकांच्यावतीन संवेदना उक्तायतल्यो.राष्ट्रपती आयज सेंट पीटर्स बॅसिलिकात पोप फ्रान्सिस हांका आर्गां ओपतल्यो, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयाच्या निवेदनात म्हळा. राष्ट्रपती फाल्या तांच्या निमणेसंस्कारात हजर रावतल्यो. संवसराभरातले हेर मानेस्त लेगित हेवेळर हजर आसतले. पोप फ्रान्सिस २१ एप्रिलाक संवसाराक अंतरले.

भारत दरेका आतंकवाद्याक आनी तांका फाटबळ दिवप्यांक वळखून, ताचो सोद घेतलो आनी ख्यास्त दितलो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. प्रधानमंत्र्यानी म्हणलें कि , आतंकवादाक खर ख्यास्त मेळटली . टॅन्क खार ख्यास्त मेळची हे खातीर सगळे यत्न करतले, आनी पुराय राष्ट्र ह्या संकल्पांत एकजूट आसा अशें तांणी सांगलें. काल राष्ट्रीय पंचायती राज दिसा निमतान मधुबनी जिल्ह्यांत जाल्ल्या भौशीक मेळाव्याक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी हे सांगलें.आतंकवादाक लागून देशाची भावना केन्नाच मोडची ना अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी फुडें सांगलें. मनीसपणाचेर विस्वास दवरपी दरेकलो भारता वांगडा आसा हाचेरय प्रधानमंत्र्यानी भर दिलो. हे घडणुके उपरांत देश दुख्खी आनी वेदनेंत आसा, आनी मरण आयिल्ल्या कुटुंबां वांगडा पुराय देश खंबीरपणान उबो आसा अशें आश्वासन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दिलें.

---

इजिप्ताचे राष्ट्राध्यक्ष अब्देल फतह अल सीसी हांणी इटालियेचे विदेश वेव्हार मंत्री आंतोनियो ताजानी हांचे कडेन मेळून द्विपक्षीय संबंद आनी तात्काळ प्रादेशिक प्रस्नांचेर चर्चा केली. इजिप्ताच्या अध्यक्षपदाच्या निवेदनांत म्हणलां कि , मुखेल क्षेत्रांनी, खास करून अर्थीक, वेपार आनी गुंतवणूक मळार द्विपक्षीय सहकार्य

खोलायेन वाडोवपाचेर चर्चा केल्या. तशेंच बेकायदेशीर देशांतर विरोधी सहकार्याचेर आनी हे संबंदी इजिप्ताक आदार दिवपाची गरज हाचेरय बसकेंत चर्चा जाली. गाझा पट्टेचे परिस्थितीचेरूय दोनूय वटांनी नियाळ घेतलो . तशेंच बेकायदेशीर स्थलांतर आडावपा खातीर दोनूय देशां मदीं सहकार्याचें म्हत्व, तशेंच नेमान स्थलांतर करपाच्या मळार सहकार्याचें म्हत्व आनी हे संबंदी इजिप्ताक आदार दिवपाची गरज हाचेरय बसकेंत भर दिलो. पॅलेस्टायन लोकांक तांच्या जमनींवेल्यान स्थलांतरीत करप आनी पॅलेस्टायनाचें यत्न न्हयकारपाची इजिप्ताची खर भुमिका, इजिप्ताच्या राष्ट्राध्यक्षांनी अधोरेकीत केली . युद्धविरामाची दलाली करपाची, बंधक आनी ताब्यांत घेतिल्ल्या लोकांची अदलाबदल करपाक सुविधा दिवप आनी मानवतावादी मजत दिवपाची खात्री करून इजिप्तान आपली वचनबद्धताय दाखयली . तशेंच प्रादेशिक शेजाऱ्यांच्या स्थिरताय, सार्वभौमत्व आनी एकचार हांचेखातीर इजिप्तान आपलें समर्पण परतून दाखयलें.

---

पहलगाम जम्मू-काश्मीरांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो निशेध नागरिकांनी, विद्यार्थी आनी राजकी पंगडांनी केल्ल्यान काल जायत्या शारांनी मोर्चा काडले. अनंतनागांतल्या बायलां खातीरच्या सरकारी पदवी कॉलेजीच्या विद्यार्थ्यांनी ह्या हल्ल्याचो निशेध करून शारांतल्यान मोर्चा काडलो. चंडीगढांत लोकांनी जमून हे घडणुकेचो निशेध केलो. उत्तर प्रदेशांतल्या अयोध्या शारांत पहलगाम आतंकवादी हल्ल्यांकी निशेध करून मेणवाती उजवाडान मोर्चा आयोजीत केलो. दिल्लींत खान मार्केट ट्रेड असोसिएशनाच्या वांगड्यांनी असोच मोर्चा काडलो. भुवनेश्वरांत भाजपा युवा मोर्चान निशेध मोर्चा काडलो. भोपाळांत भाजपा फुडाऱ्यांनी आनी कार्यकर्त्यांनी मेणवातीचो मोर्चा काडलो. पहलगामांतल्या आतंकवादी हल्ल्याचो निशेध करून दिल्लीच्या वेपारी संघटनांनी आयज राष्ट्रीय राजधानींतली बाजारपेठ पुरायपणान बंद करपाचो उलो मारला अशें अखिल भारतीय वेपारी संघटणेन सांगलां.

---

नेपाळांत आयच्यान सुरू जावपी संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनांत प्रधानमंत्री के पी शर्मा ओली सगळ्या संवसाद वंगड्यांक मार्गदर्शन करतले . अर्थमंत्री विष्णुप्रसाद पौडेल 29 मे दिसा नव्या वित्तीय वर्साचें अर्थसंकल्प सादर

करतले.सरकाराच्या नव्या धोरणांचें आनी कार्यावळींचें अनावरण 2 मे दिसा जातलें. शाळा शिक्षण विधेयक आनी संघराज्य नागरी सेवा विधेयक सयत दोन मुखेल विधेयक सरकार फुडल्या संसदेच्या अधिवेशनांत सादर करतलें. शाळेच्या शिक्षणांत एकंदर सुदारणा करपा संबंदीत मागण्यो पुराय करपा  खातीर हजारांनी शाळेचे विद्यार्थी काठमांडूच्या रस्त्यांचेर आयल्यात . प्रस्तावीत शाळा शिक्षण विधेयकांत तांची मागणी सोडोवपाचे  आश्वासन सरकारान दिला .

---

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याक लागून भारत आनी पाकिस्तान हांचे मदीं तणाव वाडत आशिल्ल्यान भारतीय विमान कंपन्यांक आपलो हवाई क्षेत्र वापरपाक बंदी घालतले अशें पाकिस्तानान काल सांगलें. भारतांत नोंदणीकृत विमान तशेंच भारतीय संचालकांच्या मालकीच्या वा भाड्यान घेतिल्ल्या विमानांक हो हवाई क्षेत्र वापरूंक मेळना. सोशल मिडिया पोस्टांत एअर इंडियान सांगलां की, सगळ्या भारतीय विमान कंपन्यां खातीर पाकिस्तान हवाई क्षेत्राचेर जाहीर केल्ल्या निर्बंधाक लागून उत्तर अमेरिकेंत, ब्रिटन, युरोप, आनी मध्य उदेंतांतल्यान वचपी वा येवपी कांय एअर इंडिया विमानांक पर्यायी विस्तारीत मार्ग आपणावपाची अपेक्षा आसा. पाकिस्तानान अचकीत हवाई जागो बंद करपाची घोशणा केल्ल्यान तांच्या कांय आंतरराष्ट्रीय विमानांचेर परिणाम जावपाक लागला अशें इंडिगो विमान कंपन्यांनीय सांगलां. प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना एका वरिश्ठ हवाई येरादारी नियंत्रकान सांगलें कि ,आंतरराष्ट्रीय उड्डाणांचो काळ विमान कंपन्यांनी घेतिल्ल्या मार्गांचेर आदारून आसतलो आनी वेगवेगळे मार्ग पर्याय आसात. विमान कंपन्यांनी आपली उड्डाण येवजण, दाखल केल्या उपरांत, ताचे परस स्पश्ट चित्र उदेतलें. विमान कंपनीच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांच्या म्हणण्या प्रमाण पाकिस्तान हवाई क्षेत्र हो ह्या वाठारांतलो म्हत्वाचो हवाई क्षेत्र आसून ताचो वापर  भारतीय विमान कंपन्यो व्हड प्रमाणांत करतात .

---

तेलंगणा राज्य सरकाराचो उपक्रम आशिल्ल्या भारत शिखर सभेक आयज प्रगतीशील विचार आशिल्लें आदर्श राज्य म्हणून दाखोवपा खातीर माची सज्ज

केल्या . दोन दिसांच्या ह्या काय्यक्रमांत संवसारांतल्या शंबर देशांतल्या वेगवेगळ्या मळां वयल्या 450 वयर प्रतिनिधींनी वांटो घेतले . सरकारांचे मुखेली, संसदेचे वांगडी, राजकी पक्षांचे प्रतिनिधी, आनी वेगवेगळ्या मळार विचार मंडळ म्हणून नामना मेळिल्ले लोक ह्या कार्यावळींत वांटो घेतले. तशेच तेलंगणाची उदरगत, साधनां आनी काँग्रेस सरकाराचे कल्याणकारी उपक्रम स्पश्ट करतले अशें तांणी सांगलें. ह्या शिखर सभे वरवी राज्याक संवसारीक पांवड्यार दाखोवपाक मदत जातली अशे ताणी मुखार म्हणला .

---

---

---

काश्मीरांत आतंकवादी हल्ल्या उपरांत तणावाची परिस्थिती आनीक इबाडची न्हय म्हूण भारत आनी पाकिस्तानाक चडांत चड नियंत्रण दवरचे पडले अशें संयुक्त राश्ट्रांचे सरचिटणीस आंतोनियो गुटेरेस हाणी सांगला . मंगळारा पहलगामांत उण्यांत उणे 26 जाणांक मरण आयिल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो निशेध करतना सरचिटणीसानचे प्रवक्ते स्टीफन दुजारिक हांणी सांगलें,कि पाकिस्तान आनी भारत ह्या दोनूय देशांक चडांत चड आत्मसंयम दवरचें, आनी परिस्थिती आनीक इबाडचीं न्हय हाची खात्री करची. पाकिस्तान आनी भारता मदले खंयचेय प्रस्न अर्थपूर्ण परस्पर संबंदा वरवीं शांततायेन सोडोवंक जाय अशें तांणी सांगलें. आंतरराष्ट्रीय बंदी आशिल्ल्या पाकिस्तानांतल्या लश्कर-ए-तोयब ह्या आतंकवादी गटाच्या आघाडी संघटनेन पर्यटकांची हत्या केल्ल्या ह्या हल्ल्याची जापसालदारकी घेतल्या. भारतान पाकिस्ताना आड कारवाय केली, त्यांच्या राजदूतांक हद्दपार केले, आनी तांच्या नागरिकांचे कांय व्हिसा रद्द केले आनी वेपार बंद केलो.

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत पाकिस्ताना आड सुरक्षा मंत्रीमंडळ समितीन घेतिल्ल्या कृतींक हेर पक्षांतल्या फुडाऱ्यांनी तेंको दिला. तशेंच पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याक लागून नवी दिल्लींतल्या संसद घर संकुलांत सरकारान आपयल्ले सर्वपक्षीय बसकेंत आतंकवादाच्या आड झुजपाक आनी तांणी केल्ल्या संभाव्य कारवायेक सरकाराक पुराय तेंको दितले अशें आश्वासन पक्षांतल्या

फुडाऱ्यांनी दिलें. प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें कि , सगल्या पक्षांनी आतंकवादी हल्ल्या विशीं आपलो हुस्को उक्तायला .

---

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन ते चार दिसांनी वायव्य भारतात उश्णतायेचा ल्हारांचो अदमास उक्तायला . आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण अस्तंत मध्य प्रदेश, अस्तंत राजस्थान, पंजाब, हरियाणा, दिल्ली आनी उदेंत राजस्थानात ह्या म्हयन्याचे 29 तारखे मेरेन उश्णतायेची ल्हारां पातळटली .